CAREERINDIA

# PAPER-II
# KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________________

   (Name) ____________________________

2. (Signature) ____________________________

   (Name) ____________________________

OMR Sheet No. : ...............................................

(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |

(In figures as per admission card)

Roll No.____________________________________

(In words)

**D 8 5 1 4**

Time : $1\,^1/_4$ hours]

[Maximum Marks : **100**

Number of Pages in this Booklet : **12**

Number of Questions in this Booklet : **50**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   - (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   - (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   - (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.

   **Example :** (A) (B) ● (D)

   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Paper I Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means such as change of response by scratching or using white fluid, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and Original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are, however, allowed to carry original question booklet and duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. इस पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   - (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   - (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   - (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।

   **उदाहरण :** (A) (B) ● (D)

   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, जैसे कि अंकित किये गये उत्तर को मिटाना या सफेद स्याही से बदलना तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर मूल प्रश्न-पुस्तिका तथा OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई नकारात्मक अंक नहीं हैं ।**

www.careerindia.com

CAREERINDIA

# KONKANI
# कोंकणी
## Paper – II
## प्रश्नपत्र – II

**Note :** This paper contains **fifty (50)** multiple-choice questions, each question carrying **two (2)** marks. Attempt **all** of them.

**नोट** : इस प्रश्नपत्र में **पचास (50)** बहु-विकल्पीय प्रश्न है । प्रत्येक प्रश्न के **दो (2)** अंक है । **सभी** प्रश्न अनिवार्य है ।

**सुचोवण्यो :** (i) ह्या प्रस्नपत्रांत वट्ट पन्नास **(50)** भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.

(ii) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे सकयल दिल्ल्या (A), (B), (C), (D) ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षरान दिंवची.

(iii) दर प्रस्नाच्या सारके जापेक दोन **(2)** गुण दवरल्यात.

(iv) सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो दिंवच्यो.

**1.** 'सारस्वत कीर्तन माला' हो धर्मीक गीतांचो संग्रह कोणे संपादित केला ?

(A) आर.सि. शर्मा (B) इंद्रकांत शर्मा

(C) पद्नाभ शेणय (D) वि. शेट बलराज

**2.** ग.दि. माडगूळकरांचें गीत-रामायण हें काव्य कोंकणीत कोणे अनुवादीत केला ?

(A) श्रीपाद देसाय (B) प्रा. अेन्. अेन्. आनंदन

(C) बी.वी. बाळिगां (D) आर.के. राव

**3.** 'एव आनी मोरी' ह्या म्हाकाव्यांत कितल्यो वळी आसात ?

(A) १००१ (B) १००२

(C) १००३ (D) १००५

**4.** दोतोर मनोहरराय सरदेसाय हांच्या सकयल दिल्लया पुस्तकांचो प्रकाशन वर्साप्रमाण क्रम लायात.

(A) माणकुलीं गीतां, गोड गोड गीतां, जादुचो कोंबो, बिराड बदललें

(B) गोड गोड गीतां, जादुचो कोंबो, माणकुलीं गीतां, बिराड बदललें

(C) बिराड बदललें, माणकुलीं गीतां, गोड गोड गीतां, जादुचो कोंबो

(D) गोड गोड गीतां, बिराड बदललें, माणकुलीं गीतां, जादुचो कोंबो

**5.** विद्या पै हाणी हांतूतल्या खंयच्या पुस्तकाचो इंग्लिश अणकार केला ?

(A) 'युगसांवार' (B) 'स्वरानंद'

(C) 'खण खण माती' (D) 'अच्छेव'

**6.** "'काव्यशास्त्राची बियां' 'निरुक्त' ग्रंथात मेळटात." अशें कोणे खंयच्या पुस्तकांत म्हळां ?

(A) डॉ. किरण बुडकुले – 'समिक्षेकडेन इश्टागत'

(B) श्री शं. फडके – 'भारतीय साहित्यविचार'

(C) प्रियदर्शिनी तडकोडकार – 'कोंकणी साहित्य - मञ्जिरी'

(D) डॉ. चंद्रलेखा – 'कोंकणी काव्य चेतना'

**7.** 'रवींद्रनाथ टागोर जिवीत आनी कवीत' हें पुस्तक कोणे प्रकाशित केला ?

(A) कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव - गोंय

(B) गोंय कोंकणी अकादमी, पणजी - गोंय

(C) खेळ आनी सांस्कृतिक खातें, गोंय दमण आनी दीव सरकार, पणजी-गोंय

(D) राजहंस प्रकाशन, पणजी - गोंय

**8.** 'प्रसंग' हो कथाझेलो हांतूतल्या कोणे बरयला ?

(A) रामानंद गजानन गावडे (B) विठ्ठल आवदियेंकार

(C) दिलीप बोरकार (D) संपदा सवासे

**9.** 'समाज सुदारणे वांगडा समाजांतलो लोकवेद ना जाता' अशें म्हणू शकना कारण

(A) शारातले लोक लोकवेदाचो आदर करिनात.

(B) लोकवेद हो केन्नाच ना जायना तर तो बदलत रावता.

(C) सरकारी पावंड्यार लोकवेदाक पालव मेळना.

(D) नवी पिळगी लोकवेदाचो सोद धेवपाचे काम करीना.

**10.** कोंकणीत सुरू केल्लो पयलो 'तियात्र' कोंकणीच्या खंयच्या मोडींत बरयल्लो आशिल्लो ?

(A) मंगळूरी (B) अंत्रुजी

(C) बारदेशी (D) कोड्याळी

**11.** कवी आनी कवितेतल्यो वळी हांच्यो जोड्यो लायात.

(अ) मुगा अेदें माथें । मळबा अेदें सातें ।
पांय कांय नांत गांवभर भोंवता ।
चार्मुर करता जोते ।
— (च) संत सहजानंद

(ब) चंबू भरून हाडला पळे तोंड धुवच्याक
मिठा-पुडी तयार केली दांत घासच्याक
— (छ) श्री शिवरामाश्रम स्वामी

(क) उतराक पाळो दिवच्याक परगांवाक तो गेलो
बेसांव पडोन ताचेर विशेस नंदन जालो
— (ज) चा. फ्रा. दि. कोस्ता

(ड) पेजे वाटली हातीं धेवन दर्या वेळेर रावला
कोणूय विचार नाकात चोंवन तोंड कित्याक बावला
— (झ) लुवीस मास्कारेन्हस

(ञ) मो. सिलवेस्टर मिनेजिस

(A) अ – ज, ब – ञ, क – च, ड – छ
(B) अ – छ, ब – च, क – झ, ड – ज
(C) अ – ञ, ब – ज, क – झ, ड – छ
(D) अ – च, ब – ञ, क – छ, ड – झ

**12.** ‘सुनीता बाय’ हांच्या कविताझेल्याचे नांव कितें ?

(A) कोंकणी काव्य मंजरी
(B) अक्षयपात्र
(C) सुकृत फळां
(D) परमळ

**13.** हांतूतली दामोदर मावजो हांची कथा खंयची ?

(A) पोटलो
(B) किळांच
(C) घर आनी घोंटेर
(D) किंळची

**14.** बरोवपी आनी ताची साहित्यकृती हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | मूळ पुरूश | ५. | झोतिकु द सौज |
| २. | अशें घडलें | ६. | डॉ. अरुण हेबळेकार |
| ३. | विश्वाची उत्पत्ती | ७. | अशोक शिलकार |
| ४. | सैमाच्या आंगणात | ८. | रामनाथ गजानन गावडे |
| | | ९. | गोकुळदास मुळवी |

(A) १ – ९, २ – ७, ३ – ८, ४ – ५
(B) १ – ८, २ – ५, ३ – ९, ४ – ६
(C) १ – ७, २ – ९, ३ – ५, ४ – ८
(D) १ – ९, २ – ५, ३ – ६, ४ – ७

CAREERINDIA

15. हांतूतली 'लोकवेदाची' खंयची व्याख्या प्रमाण मानतात ?

(A) 'मौखीक परंपरेन वा पारंपारिक कृतींनी एके पिळगेतल्यान दुसरे पिळगेकडेन वचत रावपी, वेग-वेगळ्या रूपांत मेळपी, आनी एका पंगडाच्या सगळ्या वांगड्यांमदीं आसपी, सगळ्यो गजाली म्हळ्यार लोकवेद.'

(B) 'अनुकरण आनी मौखीक परंपरा, हांतूतल्यान मेळपी सगळें गिन्यान म्हळ्यार लोकवेद.'

(C) 'पुरायतरेन मौखीक परंपरेंत जगपी संस्कृतींत मेळपी सगळेंच म्हळ्यार लोकवेद.'

(D) 'पूर्वपरंपरेसाकून मौखीक परंपरेन जें गिन्यान मनीस जातीक मेळ्ळां, तें तिणें अणभवलां, आत्मसात केलां आनी जतन करून दवल्लां, तें सगळे म्हळ्यार लोकवेद.'

16. अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या कवितांचो कोंकणी अणकार हांतूतल्या कोणे केला ?

(A) राम बाळकृष्ण प्रभु चोडणेकार
(B) दाजीसायब देसाय
(C) श्री प्रभाकर शेजवलकार
(D) श्री अशोक शिलकार

17. 'अगड बिगड तिगड था
तीन तकल्यो पांय धा'
ह्या हुमाण्याची बरोबर जाप हांतूतली खंयची

(A) चूल
(B) घड्याळ
(C) बैलांचें जोत
(D) बांयचो घडघडो

18. मांडो गीताचे कितले प्रकार आसात ?

(A) तीन
(B) चार
(C) पाच
(D) दोन

19. हांतूतलें खंयचें उतर अरबी भाशेचो कोंकणी भाशेर आशिल्लो प्रभाव दाखयता ?

(A) कदेल
(B) बागील
(C) दुकान
(D) दुस्मान

20. हांतूतलें खंयचें पुस्तक गोदुबाय केळेकार हांचे आसा ?

(A) भांगराची कुराड
(B) फुलत्यो कळयो
(C) गांठलें
(D) रामग्याची वाघा भोंवडी

CAREERINDIA

**21.** 'म्हजो खुरीस

म्हाकाच अुबारून व्हरपाक जाय

ते म्हाका खुर्सार

केन्ना चडयतीत म्हणपाचो नेम ना'

वयर दिल्लयो कवितेतल्यो वळी हांतूतल्या कोणाच्या कवितेतल्यो ?

(A) बाकीबाब बोरकार (B) बयाभाव

(C) पांडुरंग भांगी (D) शंकर भांडारी

**22.** 'अळमीं' ह्या चंद्रकांत केणी हांच्या कथाझेल्याचे उजवाडा वर्स हांतूतलें खंयचें ?

(A) १९७१ (B) १९७२

(C) १९७५ (D) १९६५

**23.** लोकवेदाच्या खंयच्या प्रकारात संवादापरस गीतांक चड म्हत्त्व आसा ?

(A) गावडी जागर (B) विधीनाट्य

(C) लोकनाट्य (D) खेळ

**24.** हांतूतली खंयची व्यंजना 'घासडीं' व्यंजना आसात ?

(A) घ्, ज्, झ् (B) स्, श, ष

(C) क्, च्, ट् (D) त्, थ्, द्

**25.** 'अक्कल आशिल्ल्याक भांडवल नाका' ह्या म्हणीचो हांतूतलो अर्थ खंयचो ?

(A) अक्कल आसल्यार पैशाची गरज ना.

(B) अक्कल आसल्यार पैसो कमी जायना.

(C) बरे-वायट पारखूपाचो विवेक आसप हेंच भांडवल.

(D) अक्कल दिवन भांडवल मेळंव येता.

CAREERINDIA

**26.** अणकार आनी अणकारपी हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | एका विचारांची जिवीत कथा | ५. | मुकेश थळी |
| २. | त्रिवेणी | ६. | रघुनाथ व्ही. पंडित |
| ३. | चेम्मीन | ७. | माधवी सरदेसाय |
| ४. | वल्लभपुरची दंतकथा | ८. | प्रकाश थळी |
| | | ९. | चंद्रकांत केणी |

(A) १ – ८, २ – ६, ३ – ७, ४ – ५ (B) १ – ७, २ – ९, ३ – ६, ४ – ८

(C) १ – ६, २ – ८, ३ – ५, ४ – ९ (D) १ – ५, २ – ७, ३ – ८, ४ – ६

**27.** हांतूतलें खंयचें वाक्य बरोबर आसा ?

(A) 'रवींद्रनाथ टागोर जिवीत आनी कवीत' ह्या पुस्तकातले स लेख नंदकुमार कामत हाणी अणकारीत केल्यात.

(B) 'रवींद्रनाथ टागोर जिवीत आनी कवीत' ह्या पुस्तकातले स लेख मनोहरराय सरदेसाय हाणी अणकारीत केल्यात.

(C) 'रवींद्रनाथ टागोर जिवीत आनी कवीत' ह्या पुस्तकात वट्ट बारा लेख आसात.

(D) 'रवींद्रनाथ टागोर जिवीत आनी कवीत' ह्या पुस्तकात वट्ट धा लेख आसात.

**28.** 'भाशेक वजन लाबून ती धश्टपुश्ट जातली जाल्यार ते भाशेंत समीक्षणात्मक लेखन जावपाक जाय, शास्त्रीय विवेचन येवपाक जाय आनी विचाराक खाण मेळटा अशें तरेचें बरप जावपाक जाय' ही उतरां कोणाची आनी खंयच्या पुस्तकाच्या प्रस्तावनेंत बरयल्यात ?

(A) प्रबल दासगुप्ता – भासाभास

(B) उदय भेंब्रो – कोंकणी व्याकरण

(C) पुंडलीक नायक – कोंकणी समीक्षणाची परिभशिक उतरावळ

(D) रवींद्र केळेकार – ओथांबे

**29.** योग्य तो पर्याय वेंचून सकयल दिल्ले कवितेंतले कडव्याची निमणी वळ दिवन कडवें पुराय करात.

पर्जळाच्या रूपान ताणी
विणलां वस्त्र आत्म्याचें
पवित्र वाद मानल्यार लेगीत
_______ ______ ______ ______

(A) विश्वाच्या गुठा गोपांतले (B) दायज जावन भक्तांचें

(C) ताणटा आमचें जिणे वेरें (D) लागता कठीन समजूं सारकें

**30.** "वयर वयर माडाक पिकोलां पोयें । हरिहरान जिकलां गोयें" ह्यो वळी हांतूतल्या खंयच्या लोकनाचाकडेन संबंधित आसात ?

(A) चांदराच्या मुसळ नाचाकडेन

(B) काणकोणच्या रणमाल्याकडेन

(C) सत्तरीच्या मोरूलो नाचाकडेन

(D) दिवचलच्या घोडेमोडणेकडेन

**31.** "प्रकाश पाडगांवकराच्या 'उजवाडाच्या पावलां' क काळखाची चड ओड" अशें हांतूतल्या कोणे म्हळा ?

(A) रवींद्रबाब केळेकार

(B) डॉ. मनोहरराय सरदेसाय

(C) डॉ. हरिश्चंद्र नागवेकार

(D) काशिनाथ शांबा लोलयेंकार

**32.** 'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा' ह्या संपादनात आस्पावल्या कथांचो काळ हांतूतलो खंयचो ?

(A) १९६१ – १९७६

(B) १९६२ – १९७५

(C) १९६१ – १९७५

(D) १९६२ – १९७६

**33.** "कोंकणीचें मूळ सोदूंक गेलो जाल्यार निजें नातें संस्कृता लागीं आसा. बालभाशा ही संस्कृताची धूव आनी तिजी धूव कोंकणी, म्हणटकच संस्कृताचें आनी कोंकणीचें रगत एकूच" अशें कोंकणी भाशेसंदर्भात कोणे म्हळां ?

(A) नागेश सौंदे

(B) रामचंद्र पांडुरंग वैद्य

(C) शणै गोंयबाब

(D) रवींद्र केळेकार

**34.** हांतूतली खंयची दोन विधानां चूक आसात ?

1. ण् हो कोंकणी स्वन वेवस्तेतलो म्हत्त्वाचो स्वन.
2. स्वनांतरांचे व्याकरण अर्थाचे नदरेन म्हत्त्वाचे आसा.
3. अल्पप्राण कोंकणीत सगळ्या सुवातांनी मेळटात.
4. अल्पप्राण कोंकणीत सगळ्या सुवातानी मेळनात.

(A) 1, 3

(B) 1, 2

(C) 2, 4

(D) 2, 3

**35.** 'गोंयच्या क्रिस्तांवांनी आपली आवय-भास सोडून दिवन फकत पुतुर्गेज भास उलोवक जाय' असो हुकूम, इंकिजिसांव हे संस्थेन खंयच्या बर्सा भायर काडलो ?

(A) १७३१ (B) १७४१

(C) १७४२ (D) १७४५

**36.** उदिच्च बोलीक शुद्ध लेखताले कारण

(A) ती एकूच प्राकृत बोली आशिल्ली.

(B) ती छांदसाक लागिंची आसली.

(C) बुद्धान तिका वयर काडली.

(D) तिकालागून संस्कृत आनी प्राकृत भाशेमदी फरक जातालो.

**37.** 'विवेकमाळ' हें कितल्या वळींचें काव्य आसा ?

(A) तीन हजार (B) बारा हजार

(C) स हजार (D) सात हजार

**38.** अर्थतत्त्वाक आत्म्याचो रूपकार दिवपी विद्वान कोण ?

(A) अभिनवगुप्त (B) मम्मट

(C) वामन (D) आनंदवर्धन

**39.** नेमाळी आनी तांचे उजवाडा वर्स हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| अ. | पयणारी | य. | १९१९ |
| ब. | रोटी | र. | १९५८ |
| क. | धि गोवा मेल | ल. | १९१४ |
| ड. | कोंकणी दायज | व. | १९१५ |
| | | श. | १९४० |

(A) अ-ल, ब-व, क-य, ड-र

(B) अ-व, ब-श, क-ल, ड-य

(C) अ-श, ब-ल, क-य, ड-र

(D) अ-ल, ब-श, क-र, ड-व

www.care

40. 'गोंयकाराचो मुंबयकार' हें काव्य हांतूतल्या खंयच्या छंदात आसा ?

(A) साकी (B) ओवी

(C) कटाव (D) दिंडी

41. 'तुज्या सपनेल्या गांवां' ह्या नावान भौ. कमलाकर म्हाळशी हाणी हांतूतल्या खंयच्या कवीच्या कवितेचेर लेख बरयला ?

(A) शंकर रामाणी (B) माधव बोरकार

(C) पांडुरंग भांगी (D) प्रसाद लोलयेंकार

42. कथा आनी कथाकार हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| अ. | अनवळखी | य. | ओलिव्हिन्य् गोमिश |
| ब. | अथरेक | र. | गजानन जोग |
| क. | शिरी, बायल, मदुबाब | ल. | महाबळेश्वर सैल |
| ड. | मॅट्रिकेचो रिझल्ट | व. | चंद्रकांत केणी |
| | | श. | दामोदर मावजो |

| | अ | ब | क | ड |
|---|---|---|---|---|
| (A) | व | श | य | ल |
| (B) | व | य | र | श |
| (C) | र | य | श | ल |
| (D) | ल | व | य | र |

43. 'क्विंटिलियन' हो कोण आसलो ?

(A) भाशाविज्ञानिक (B) कवी

(C) तत्वज्ञ (D) वक्तृत्वशास्त्री

44. 'वावराड्यांचो इश्ट' हें नेमाळे हांतूतल्या खंयच्या प्रकारांत आसपावता ?

(A) सातोळें (B) म्हयन्याळें

(C) दिसाळें (D) पंद्राळें

CAREERINDIA

**45.** 'निबंधमाळ' हो निबंधझेलो हांतूतल्या कोणाचो ?

(A) सुधा आमोणकार (B) सुधा वसंत लवंदे

(C) डॉ. श्री शं. फडके (D) महेश पारकार

**46.** सूचीकार एराझमस (Erasmns) हांणी आपल्या बरपावळीची सूची निवेदनात्मक स्वरुपात खंयच्या वर्सा केली ?

(A) १५२१ (B) १५२४

(C) १५२३ (D) १५२५

**47.** हांतूतलें खंयचें वाक्य चूक आसा

(A) प्लेटो आनी ॲरिस्टोटल हांचो काव्याविशींचो वेगवेगळो दिश्टीकोण तांगेले विचारसरणेंत आसपी फरकांतल्यान उदेला.

(B) ॲरिस्टोटलाची विचारप्रणाली सैमीक निरीक्षण, जीवशास्त्रीय कल आनी अणभवजन्य अभ्यासपद्दतींतल्यांन वयर सरल्या.

(C) प्लेटो आनी ॲरिस्टोटल ह्या दोगांकय कवितेचे आंतरीक तांकिची खर जाणविकाय आसा.

(D) ॲरिस्टोटल प्रत्यक्ष अणभव आनी सुक्षीम निरीक्षण हांच्या पालवान काव्याच्या मोलाची पारखणी करतना समाजहिताचे नदरेन विचार करीना.

**48.** आठव्या युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाचो कार्याध्यक्ष कोण आसलो ?

(A) हनुमंत चोपडेकार (B) राजय पवार

(C) विन्सी क्वाद्रुश (D) भूषण भावे

**49.** 'गोंयबाबानी आपल्या साहित्यांतल्यान निजाचें कोकणीपण राखून दवरपाचो यत्न केला.' अशें शणै गोंयबाबासंबंधी हांतूतल्या कोणे म्हळां ?

(A) माधवी सरदेसाय (B) राजय पवार

(C) शांताराम वर्दे वालावलकर (D) प्रियदर्शिनी तडकोडकार

**50.** पत्रात्मक कादंबरी लेखनाचो प्रयोग हांतल्या कोणे केला ?

(A) महाबळेश्वर सैल (B) शणै गोंयबाब

(C) चंद्रकांत केणी (D) ज्योती कुंकळकार

**Space For Rough Work**

www.careerindia.com